
# Booth Level Officer E-Patrika




Volume 5

# प्रस्तावना

मानादीक आयुक्तानी दोन म्हयनाळ्या बीऍलओ ई-पत्रिकेचें 14 सप्टेंबर 2022 दिसा विमोचन केल्या उपरांत आतां मेरेन ताच्यो चार आवृत्त्यो आयल्यात. सुरवाते सावन, आमच्या बूथ स्तरीय अधिकाऱ्यांनी बरें काम करचें म्हणून तांकां कळीत, शिक्षीत आनी प्रोत्साहीत करपाचो यत्न आमी केला.

फाटल्या आवृत्त्यांनी, आमी बीऍलओची भुमिका आनी जापसालदारकी हाचेर सखोल माहिती दिल्या. तेच भशेन, भारतीय लोकशायेच्या 10.37 लाख बूथ स्तरीय अधिकाऱ्यांच्या बळाक प्रोत्साहीत करूंक आमी बीऍलओंच्यो अणभव काणयो आनी भासाभास प्रकाशीत केल्या.

हे आवृत्तींत, बीऍलओंक तांच्या मुळाव्या जापसालदारक्यांचो उगडास करूंक कॉमीक शैलींत काणी सांगपाची पद्दत आपणावपाचो निर्णय आमी घेतला. ही पद्दत बीऍलओ खातीर नाविन्याची, वाचक-स्नेही आनी माहितीपूर्ण आसतली.

मतदार नोंदणीकरण, मतदार वळेरी शुद्धीकरण, पीडब्ल्यूडी मतदारांचेर खूण करप, ऍपीक-आधार लिंक करप आनी बीऍलओन मतदारां कडेन माहिती पावंक जाय अशी हेर माहिती हे सारकिले विशय आमी हाताळ्ळ्यात.


## संपादकीय समिती

ऍन.ऍन बुटोलिया
वरिश्ठ प्रधान सचीव
(मतदार वळेरी)

अशोक कुमार
संचालक (आयटी)

कुलदीप कुमार सहरावत
संचालक (प्रशिक्षण),
आयआयआयडीईऍम

ऍस. सुंदर राजन
संचालक (ईवीऍम)

दीपाली मासीरकर
संचालक
(वेंचणूक नियोजन)

संतोष अजमेरा
संचालक (स्वीप)
वांगडी निमंत्रक

## संपादकीय मंडळ

आर.के. सिंह
समन्वयक स्वीप

अनुज चांडक
जोड संचालक (स्वीप)

नूपुर प्रविण
वेव्हार सल्लागार

ईशा खान
ग्राफीक डिझायनर

# बीऍलओ नवो मतदान नोंद करता




दोगांनी? म्हज्या धाकल्या चल्यान अजून नोंदणीकरणाक लागपी पिराय पुराय करूंक ना, आनी मुकेशाक मतदार नोंदणीकरण प्रक्रिया कटकटीची दिसता आनी ह्या कामा खातीर वेंचणूक कार्यालयांत वचूंक कोणा कडेन वेळ आसा!?
मॅडम, ह्या संदर्भांत ईसीआयन दोन नवे नेम काडल्यात. 17 वर्सां पिराय पुराय ज़ातकच, ऍनवीऍसवी वरवीं ऑनलायन फॉर्म 6 भरून वा तुमच्या बीऍलओक विचारून, एकाद्रो मतदार नोंदणीकरणा खातीर अर्ज करूंक शकता. अर्जदारान 18 वर्सां पिराय पुराय करतकीच, तांची आपोआप मतदार वळेरेंत नोंदणी जातली.
अरे! आमकां हे नवे गजाली विशीं खबरूच नाशिल्ली!
अरे वा! पूण बीऍलओ काका दुसऱ्या नेमा विशीं कितें?
म्हणटकच म्हजो भाव मतदार जावंक अर्ज करूंक शकता?


दर वर्साची **1** जानेवारी, **1** एप्रील, **1** जुलय आनी **1** ऑक्टोबर ह्यो चार तारखो मतदार नोंदणीकरणा खातीरच्यो पात्रताय तारखो आसात. म्हणजे, जर तूं **18** वर्सां पिराये वयर आसल्यार, वर्सांतल्या ह्या चार पात्रताय तारखांतले खंयचेय एके तारखेक तूं मतदार म्हणून नोंदणी करूंक शकता.



# बीऍलओ मरण आयिल्ल्या मतदाराक मतदार वळेरेंतल्यान काडटा









अविनाश तें फॉर्म भरता आनी आवश्यक दस्तावेज बीऍलओक दिता.




गांवच्या तिठ्यार लोकांची गर्दी पळोवन बीऍलओ कांय अंतर चलता. बीऍलओ तांचे कडेन वता. एक दादलो ताका पळोवन हात दाखयता.
आरे, थंय कितें चल्लां काय
कितें जालां?
सगळ्यांक बरी सकाळ आंवडेतां!
हे विशीं हांव बीऍलओक विचारतां...
हो पळय, आयलो!
बीएलओबाब!
बरें जालें, आमकां बुथार वचपाची गरज ना.
बीएलओ सायब, आमचे प्रस्न घेवन आमी बुथार येवंक सोदतालीं. बरें जालें, तूं हांगाच मेळ्ळो.
हांव तुमचे सेवेक आसां. सांगात, कितें जालें.





तुमी केन्नाय बुथाक भेट दिवंक शकतात, वा हांव घरा-घरांक भेट दीत मेरेन रावंक शकतात. वा आनीक एक पर्याय आसा. ईसीआयन पीडब्ल्यूडी मतदारां खातीर तयार केल्लें सक्षम ॲप डावनलोड करचें. ह्या ॲपा वरवीं लेगीत पीडब्ल्यूडी म्हणून नोंद करपाची मागणी करूं येता. हें ॲप वापरकर्ता स्नेही आसा आनी पीडब्ल्यूडी मतदारांक आदार करूंक तयार केलां.










घरा-घराक भेट दिल्या उपरांत बीऍलओ आपल्या पोलिंग बुथाचेर पावता.



एकाद्या मतदाराक ताच्या सहाय्याची गरज पडत म्हणून तो थंयच रावतलो.

# बीऍलओ पोलिंग बुथाचेर

